**पणजे शारांतल्या येरादारी मार्गांत बदल**

ता. 17 डिसेंबर 2020

भारताचे राष्ट्रपती गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्याक हाजिर रावपाखातीर 19 डिसेंबर 2020 दिसा गोंयांत येवपाचे आशिल्ल्यान उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान ता. 19 आनी 20 डिसेंबर 2020 दिसा पणजी शार ते मिरामार-दोनापावला येरादारी मार्गांत बदल करपाचो आदेश दिला. पणजी कदंब बस स्थानकाकडल्यान पणजी शारावटेन येवपी येरादारी पोरण्या सचिवालयाकडल्या बांदोडकराच्या पुतळ्याकडल्यान वळसो घेवन जुजे फाल्काव मार्ग, चर्च चौक, ए. बी. मार्ग, हॉटेल पालासियो द गोवा, सांतिनेज जक्शन, सांतिनेज चर्च, उजो पालोवपी दळ जक्शन, हॉटेल गोवा इंटरनॅशनल रस्त्यान फुडें वतली आनी मिरामार- दोनापावला वटेनच्यान येवपी येरादारी आयवांव जक्शना कडेन वळसो घेवन पोरणे दोनापावला, आदर्श सर्कल, हॉटेल गोवा इंटरनॅशनल, उजो पालोवपी दळ, सांतिनेज जक्शन, 18 जुन मार्ग, कॉमर्स पॉयंट, कस्टम हाऊस, डी. बी. मार्गान पणजी शारा भायर वतली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/734

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji